## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं मंत्रालयाचे उक्तावण

ता. 30 मे 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरीच्या सचिवालय प्रकल्पातल्या नुतनीकरण करून 'मंत्रालय' अशें नामकरण केल्ल्या मिनिस्टर ब्लॉक इमारतीचें उक्तावण केले. 'मंत्रालय' इमारतीत मुख्यमंत्री आनी मंत्र्यांच्या कचेऱ्यांसयत परिशद सभाघर, कॅबिनेट रूम आनी हेर सरकारी विभाग आसात. मंत्रालयात व्हिडिओ कॉन्फरंसिंग आनी हेर आधुनिक सुविधा उपलब्ध केल्यात.

मंत्रालयाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक मंत्री, आमदार, सरकारी सचीव आनी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं भेटयली आनी आयज सावन मंत्रालयातल्यान नव्यान सरकारी कामकाजाक सुरवात जातली, अशें सांगलें. आयज आमी 36 वो घटक राज्य दीस मनयतात. आमचे सरकार राज्याच्या विकासा खातीर काम करता, अशेंय तांणी म्हणलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/448

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.